# गिरायक हक्क दिसानिमतान पाव्हर पॉईंट सादरीकरण सर्त

ता. 25 जून 2021

नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्यान राज्य गिरायक हक्क दिसानिमतान गोंयांत राबीतो करपी विद्‍यार्थी, युवक आनी सर्वसामान्य लोकांखातीर "जागरूक गिरायक" ह्या विशयाचेर पाव्हर पॉईंट सादरीकरण सर्तीचे आयोजन केला. ही सर्त 25 जून 2021 ते 15 जुलय 2021 मेरेन उकती आसतली. सर्तीखातीर नोंदणी शुल्क आसचे ना. प्रत्येक उमेदवाराक एक प्रवेशीका दिवपाक मेळटली. उमेदवारान राबीतो दाखलो/शाळेचे वळखपत्र जोडपाक जाय. प्रवेशीकां scrdpptcontest@gmail.com ह्या ई-मेलाचेर धाडपाक जाय. सादरीकरण 5 स्लायडीपरस आनी 20 एमबी परस चड आसचे न्हय.

परिक्षकांचो विशयाचे विश्लेशण, नाविन्यपण, मुळावेंपण, सर्जनशिलता, ऑडिओ/व्हिडिओ इफेक्ट, अपवादात्मक वापर, स्पश्टोच्चार अशां गजालींचेर भर आसतलो.

सर्तीचे पयले इनाम 10,000/-रूपया, दुसरे इनाम 5,000/- रूपया (तीन इनामां), तीसरे इनाम 3,000/- रूपया ( पाच इनामां) आनी चौथ्ये इनाम 1,000/- रूपया (धा इनामां) दितले.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/556